आकाशवाणी

22.01.2025 @ 7.20 PM

मुखेल खबरो

1 मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची दिल्लीत भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चा केली.

2 गोंयांत तिसरो जिल्लो तयार केलो जाल्यार ताका येवकार दिवपाचो थाराव बिरेस्तारा दक्षिण गोंय जिल्लो पंचायतीच्या बसकेंत मांडलो.

3 कलेची पुजा करपी कलाकारंची नवी पिढी घडपाक जाय.हे खातीर तांका ज्येष्ठ कलाकारंचे मार्दर्शन लेगीत मेळपाक जाय अशे मत कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी व्यक केला.

4 बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ चळवळीक 10 वर्सां पुराय जाल्ल्यात

Ganesh 150

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची दिल्लीत भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चा केली. केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांचे कडेन सी झेड एम पी २०१९ आनी ई एस ए अधिसूचवणे विशीं चर्चा केल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी व्टिट करून दिली. दरयादेग वेवस्थापन आराखडो २०१९ बेगीनूच निश्चीत करचो, पश्चीम घाट जैव संवेदनशील वाठार अधिसुचवणेंतल्यान २१ गांव भायर काडपाची मागणी अशी मागणी भेटी वेळार केली. केंद्रीय पर्यावरण आनी रान मंत्रालयाचे तज्ज्ञ समितीन नोव्हेंबरांत राज्याक भेट दिवन गांवांची पळोवणी केल्ली. तशेंच तज्ज्ञ समितीन मुखेलमंत्री आनी हेर अधिकाऱ्यां कडेनूच चर्चा केल्ली. उपरांत आयज मुखेलमंत्र्यांनी प्रत्यक्ष केंद्रीय पर्यावरण मंत्र्यांकडेन ह्या विशयाचेर चर्चा केली. जी २१ गांवा भायर काडपाची मागणी जाता, तातूंत सत्तरीतले १२, धारबांदोडें म्हालांतले ५, सांगेंचे ३ आनी काणकोणच्या १ गांवाचो आसपाव आसा. फाटल्या ऑगस्टांत जारी केल्ल्या इएसए अधिसुचवणेच्या मसुद्यांत १०८ गावांचो आसपाव केल्लो. हातुंतल्यान २१ गांव वगळावचे अशी गोंयची मागणी आसा.

Sushant 120

गोंयांत तिसरो जिल्लो तयार केलो जाल्यार ताका येवकार दिवपाचो थाराव बिरेस्तारा दक्षिण गोंय जिल्लो पंचायतीच्या बसकेंत मांडलो. मडगाव हांगा जाल्ल्या ह्या बसकेचे यजमानपण अध्यक्ष संजना वेळीप हांणी केलें. रिवण जिल्लो पंचायत मतदारसंघाचे वांगडी सुरेश केपेकार हांणी हो येवकाराचो थाराव मांडलो. ह्या जिल्ह्याचें मुखेल कार्यालय केपे आसचें आनी थंयच

दक्षिण गोंय जिल्हो भवनाचीय स्थापणूक करची अशी मागणी तांणी केली. हे बसकेत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली. दामोदर नायक हे भाजपा प्रदेश अध्यक्ष म्हणून वेंचून आयिल्ल्यान तांकां बसकेन परबीं भेटयली.जिल्लो पंचायतींच्या वांगड्याच्या म्हयन्याळ्या मानधनांत वाड जाल्ल्यान वांगड्यांनी येवकार दिलो. वेळ्ळी हांगा फुटबॉल मैदान अपूर्ण आसून लेगीत ताचें उक्तावण केलां. आतां ताच्या गेटीक कुलूप लायला असो प्रस्न थंयच्या जिल्हो पंचायतीचो वांगडी ज्युलियो फर्नांडिस हांणी मांडले आनी हे काम बेगोबेग पुराय करचे अशी मागणी केली.

Santosh 80

मुरगांव बंदरातल्यान चार पदरी उड्डाण पुलाचें उक्तावण जावन २४ वरां जावचे पयलीच मुरगांव बंदर प्रधिकरणान बायणा हांगा राखणें वणत आनी गेट घालून पुलाकडे वचपी मार्ग आडायल्ल्यान थाळाव्यांनी मुखार येवन काम बंद उडयले.

बायणाच्यान पुलाक जोडपी मार्गाचेर राखणें वणत उबारून गेट घालपाच्या कामाक सुरवात केल्या उपरान्त वातावरण तापले. ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार तशेंच आदले नगराध्यक्ष दिपक नायक, लिओ रॉड्रिगीस, दामोदर कासकर आनी पालिका वांगडी प्रजय मयेकर सुवातेर पावले. नगरध्यक्षान चौकशी केली तेन्ना एम.पी.ए. चे अधिकारी सारकी जाप दिना तें पळोवन काम बंद दवरपक लायलें.

PIB 55

शेतीच्या रूपांतरणा खातीर तांत्रिक नवोपक्रम: कृषी भौतिक शास्त्राची भूमिका या विषयार राष्ट्रीय चर्चासत्र २३ जानेवारीक सकाळच्या १० वरांचेर केंद्रीय दर्या देग कृषी संशोधन संस्था म्हळ्यार ICAR एला पोरनें गोय हांगा आयोजित केल्या. सोयरे म्हण कुंभारजुवेचे आमदार राजेश फळदेसाई, Indian society of agro physics म्हळ्यार ISAP चे अध्यक्ष डॉ वाय एस शिवाय,ISAP ची सचिव डॉ प्रगती प्रेमानिक मैती आनी ICAR -CCARI चे निर्देशक डॉ प्रवीण कुमार आसतले.

Rashmi 80

इन्सटीट्युट मिनेझिस ब्रागांझा आनी एस. एस धेंपो वाणिज्य आनी अर्थसास्त्र महाविद्यालय हांच्या जोडपालवान प्रजासत्तकदिसाच्या पुर्वसंध्येचेर म्हणल्यारुच 25 जानेराक बहुभाशिक कवी संन्मेलनाचे आयोजन बांबोळे एस. एस धेंपो वाणिज्य आनी अर्थसास्त्र महाविद्यालात सकाळी 10.30 वराचेर केला. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण शिक्षणतज्ञ प्रोफेसर मनोज कामत, जाल्यार सन्मेलनाध्यक्ष म्हण पुणेचे नामनेचे कवी रामदार फुटाणे हाजीर रावतले.

ह्या बहुभाशिक कवी सन्मेलनात कोंकणी, हिंदी, मराठी, इगलिश, भोजपुरी, बंगाली, कन्नड, संस्कृत,पंजाबी,उर्दु ह्या भाशेतले कवी वाटेकार जातले. जाल्यार बंगळुर पंजाब, कर्नाटक, महाराष्ट्र, बिहार, राज्यातले कवी ह्या सन्मेलनात वाटो घेतले.

Prasad 120

गोंयच्या आराध्य दैवता मदले एक दैवत तशेच भांडारी समाजाचे आराध्य दैवत आशिल्ल्या श्रीदेव रुद्रेश्वर हांची रथयात्रा सध्या गोंयभर सुरु आसा. ही रथयात्रा शिरोड्या पावली. शिरोडेच्या कपशे पंचवाडी हांगा भाविकांनी ह्या रथ यात्रेक येवकार दिलो.

ह्यावेळार ह्या रथयात्रेचे शिरोडा भागाचे अध्यक्ष तसेच शिरोड्याचे आदले आमदार आणि माजी मंत्री महादेव नाईक, माजी मंत्री दयानंद मांदरेकर हे आनी हेर हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार उलयताना महादेव नाईक हांणी गोंयभरात ह्या यात्रेक बेस बरो प्रतिसाद मेळ्ळता अशें सांगले. कृषी मंत्री रवी नायक हांच्या अधक्षते खाला ही यात्रा सामाजिक एकचार वाडचो ह्या उद्देशान काडल्या. गोंयचे सगल्या लोकांचे कल्याण जावचे आणि गोयकार समृद्ध जावचे अशी मागणी आपणे देव रुद्रेश्वराकडेन केल्या अशेंय तानी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. पंचवाडी, शिरोडा, बोरी, बेतोडा पंचायतीतले भाग करत ही रथ यात्रा भायर सरली.

Subhash 85

प्रियोळच्या गोवा जागोर असोसिएशन , श्री देव श्रीकृष्ण जागोर देवस्थान हांणी कला आणि संस्कृती संचालनालयाच्या पालवान १२ वो जागोर महोत्सव शुक्रार आनी शेनवार, अशें दोन दिस गाळवाडे, प्रियोळ हांगा जातलो. गोवा जागोर असोसिएशनाचे अध्यक्ष हेमू गावडे आनी हांणी श्री देव श्रीकृष्ण जागोर देवस्थनाचे अध्यक्ष म्हायती राजेंद्र गावडे हांणी दिल्या. २४ तारखेक सांजे साडे स वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत , महाराष्ट्र राज्याचे कला आनी संस्कृती मंत्री आशिष शेलार , राज्याचे जलस्त्रोतमंत्री सुभाष शिरोडकर आनी कार्याध्यक्ष कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हाजीर रावतले.

Rashmi 100

कलेची पुजा करपी कलाकारंची नवी पिढी घडपाक जाय.हे खातीर तांका ज्येष्ठ कलाकारंचे मार्दर्शन लेगीत मेळपाक जाय अशे मत कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी व्यक केला. ते कला अकादमीत कला आनी ससंकृती खात्यावतीन आयोजित कला गौरव आनी कला वृध्दी पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यावेळार उलयताले. कलेप्रती सर्मपण आशिल्लो कलाकार कला अजरामर करता, कलाकारक तांच्या कलेच्या योगदानातल्यान संस्कृताय जपतात ती तिगोवन दवरपाक व्हड योगदान दिता अशें कार्यावळीचे मानाचे सोयरे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी म्हणला. हयावेळार, कला आनी संस्कृती खात्याचे सचिव सुनील अंचिपिका, पुरस्कार निवड समितीची अध्यक्ष कमलाकार म्हाळशी आनी पैर्णिमा केरकार, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप हाजीर आशिल्ले. मंत्री गोविंद गावडे हांच्या हस्तुकी हयावेळार कलाकारांक पुरस्कार भेटयले.

MAHESH SIR/DESK 25

प्रजासत्ताक दीस २०२५ च्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण संरक्षण मंत्रालयान नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय नाट्य शिबिरांत आयोजीत केल्ल्या नाच सर्तींत गोंय राज्यान दिवली नृत्यच्या सादरीकरणा खातीर पयलें इनाम मेळयलें.

RAJASHRI DESK 110

गोय सरकारच्या सांस्कृतिक दायजात पारंपरिक नाच, लोकगीता, दृश्यकला , संगीत आस्पावता. गांवगिऱ्या वाठारांनी अजुनूय हयो कला सांभाळून दवरल्यात. ताची चड प्रसिध्दी आनी प्रचार करपाक म्हण आता क्रूझचेर येवपी पर्यटकांकूय दर्शन घडोवपाचो पर्यटन खात्याचो विचार आसा. धालो, फुगडी, मांडो आदी लोकनृत्यांनी गोयच्यो सिमो हुपून पुराय देशभरात लोक प्रियता मेळयल्या

राज्य सरकार गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचो प्रसार करपाचो आनी परकी पर्यटकांक आकर्शीत करपाचो यत्न करता. हाकालागून थळाव्या लोकांक रोजगाराची संद मेळपा वांगडा गोंयची कला, संगीत आनी अन्न संस्कृतायय नव्या उंचायेर व्हरतली. तशेंच पर्यटन क्रूझांतल्यान थळाव्या कलाकारांक तांची कुशळटाय दाखोवपाची संद मेळटली . गोंयची अन्न संस्कृताय ही एक म्हत्वाची संपती. हया सगळ्या गजालींचो विचार करून सरकारान मांडवी आनी राज्यांतल्या हेर वाठारांनी गोयचे सांस्कृतीक दायज आनी अन्न संस्कृताय प्रदर्शित करपाचे थारायलां.

बेटी बचाओ 130

बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ चळवळीक वर्सां पुराय जाल्ल्यान ही चळवळ एक परिवर्तनकारी 10, लोक संचालित उपक्रम जाल्या आनी सगळ्या थरांतल्या लोकांचो सहभाग-तातूंत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलासोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें . की, ही चळवळ लिंगभेदांव पयस करपाक आनी चलयांक शिक्षण दीवपाक योग्य वातावरण तयार करपाक आनी तांचीं सपनां साध्य करपाक संद मेळपाक मदत केल्याइतिहासीक नदरेन . लिंग गुणोत्तर आशिल्-कमी बालल्या जिल्हयांतल्या म्हत्वाच्या सुदारणांचेर प्रधानमंत्र्यान भर दिलो जागृताय मोहिमेक लागून .लिंग समानतेचे महत्त्व सखोल जालां अशें तांणी सांगलें . उल्लेखनीय मार्गदर्शक तत्वां साध्य करपा खातीर लोकांच्या आनी वेगवेगळ्या समाजसेवेच्या संघटनांच्या समर्पीत यत्नांचेतांणी उपकार माललेतशेंच तळागाळांतल्या हे चळवळीक उर्बा . चलयांचे हक्कांचे रक्षण करप .दिवपी सगल्या भागधारकांचीय ताणि तोखणाय केली, तांचें शिक्षण सुनिश्चीत करप आनी भेदभाव करिनासतना ती भरभराटीक पावताली असो समाज तयार करपाचो उलो मोदी हांणी मारला.

RAJASHRI DESK 100

सुण्याची नोंदणी करपाची प्रक्रिया शार उदरगत खात्या वरची जातली आनी ती अधिकृतपणान फेब्रुवारीच्या पयल्या सप्तका सावन सुरू जातली अशे खात्यांतल्या सुत्रांनी माहिती दिल्या. फाटल्या कांय वर्सात नागरिकांक हींसक जातीच्या घरगुती सुण्यानी चाबपाची प्रकरणां उजवाडाक आयल्यात

अशा प्रकरणांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर सरकारान सगळ्या तरांच्या पोशिल्ल्या सुण्याची नोंद दवरपाचो निर्णय घेतिल्लो सुरवेक है काम गौरवां सांबाळ खाल्यान करचे काय पंचायत खात्यान करचे हाचेर चर्चा जाली. पूण आतां है काम शार उदरगत खात्या कडेन दिला.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर. नमस्कार